भुरग्याक पवित्र पुस्तक

सादर करपी

# चाळीस वर्सां



बरोवपी. :- Edward Hughes

समजावपी :- Janie Forest
Alastair Paterson

बानून घेवपी :- Lyn Doerksen

अनुवाद करपी :- सिप्रियानो गोन्सालवीस

सादर करपी :- Bible for Children
www.M1914.org

©2023 Bible for Children, Inc.
लायसन्स विकीना तो परान कापी करपाची आनी प्रींट करपाचो आधिकार आसा.
देवाच्या भासेन बरोयलेली काणी तुमका उजवाड दितली.



जेन्ना देवान इज्रायल लोकांक
इजिप्तांतल्यान सोडयले तेन्ना मोयजेसान
लोकांक उपासनेंत फुडाकार दिलो. ताणें
एक स्तुतीचें गीत रचलें. “हांव सर्वेस्पराक
गायतलों, कारण ताणें वैभवान जैत
मेळयलां.” देवान इज्रायला खातीर
केल्ल्या सगळ्या व्हडल्या गजालीं
विशीं मोयजेसान गायलें.

हॅलेलुया!
देवाक महिमा!





तीन दीस वाळवंटात रावल्या उपरांत, तान लागिल्ल्या लोकांक उदक मेळळें. पूण उदक कडू आशिल्ल्यान तांकां पियेवंक मेळळें ना. लोकांनी मागणें करचे बदला कागाळ केलो.

देव खूब दयाळू आशिल्लो. ताणें उदक पिवपाक बरें केलें.



लोकांनी सगळ्या गजालींची
कागाळ केल्लो अशें दिसतालें.
“आमकां इजिप्तांत जेवण आशिल्लें. वाळवंटात आमी उपाशी
मरतले” अशें ते रडलें. त्या दिसा सांजवेळार देवान क्वेल
नांवाचीं सुकणीं धाडलीं. लोकांनी तांकां धरले.

दुसऱ्या दिसा सकाळीं
देवान मान्ना दिले.
म्होंवाच्ची रुच आशिल्ली
एके तरेची भाकरी. दर
दिसा सकाळीं मान्ना



जमनीर एकठांय
करपाक पडटाले. अशे
तरेन देवान वाळवंटात
आपल्या लोकांक
अन्न दिलें.

नव्या जेवणाक, दर दिसा देवाचेर विस्वास दवरचो आशिल्लो. पूण कांय जाणांनी अतिरिक्त मान्ना एकठांय केलो, जरी देवान तो रातयांत कुसतलो अशें सांगलें.



खात्रीन कालचो मान्ना किड्यान भरिल्लो – सब्बाथाचो दीस सोडल्यार. त्या खाशेल्या सातव्या दिसा लोकांनी विसव घेतलो आनी कालचो मान्ना खालो.



देवान वाळवंटात
इज्रायल लोकांची
जतनाय घेतली. ताणें
तांकां अन्न आनी उदक
दिलें – आनी दुस्माना
कडल्यान तांची राखण केली.

अमालेकी लोकांनी हल्लो
केलो तेन्ना इज्रायल झुजां
जिखत रावलो , जे मेरेन
मोयजेसान देवाची दंड
उबारली ते मेरेन
इज्रायल झुजां
जिखत रावलो.





देवान इज्रायल लोकांक म्हणलें, “तुमी म्हज्या आवाजाक पाळो दिल्यार तुमी म्हजे खाशेले लोक जातले.” “देव सांगता तें सगळें आमी करतले” अशें लोकांनी मोयजेसाक सांगलें. ते सिनाई दोंगराच्या मुळसांत आयले आनी मोयजेस देवा कडेन मेळपाक वतना वाट पळयत रावले.



मोयजेस चाळीस
दीस दोंगरार देवा
वांगडा आशिल्लो.
देवान धा आदन्या
दोन फातराच्या
फळयांचेर
बरयल्यो. ताणें
मोयजेसाक
सांगलें की ताका
आपले लोक कशे
जियेवंक जाय.

1.”तुका म्हजे सोडून
हेर देव आसचे नात.”

2. “मूर्ती करुं नाका
वा नमस्कार करुं
नाका.”

3. “देवाचें नांव
व्यर्थ घेवं नाकात.”

4. “सब्बाथाचो
दीस पवित्र
दवरुंक याद
करात.”

5. “तुज्या बापाय
आनी आवयचो
मान कर.”

6. “तुमी खून करचो न्हय.”

7. “तुमी व्यभिचार करचो न्हय.”

8. “तुमी चोरचे न्हय.”

9. “तुमी फट उलोवचे न्हय.”

10. “तुमी लोभ करचे न्हय.”



मोयजेस सिनाई
पर्वताचेर देवा वांगडा
आसतना, इज्रायल
लोकांनी कितें तरी
भयानक केलें. तांणी
आरोनाक भांगराचें
वासरू करुंक आदेश
दिलो – आनी तांणी
देवा बदला ताची पुजा
केली. देवाक खूब राग
आयलो. मोयजेसाकय
राग आयलो.



मोयजेसान वासर
आनी लोक नाचता
तें पळोवन जमनीर
फातराचीं फळयो
फोडून उडयल्यो.
रागान मोयजेसान
भांगराची मूर्त नश्ट
केली. ताची पुजा
करपी दुश्ट मनशांक
मारून उडयले.

देवान दोन फातराचीं फळयो बदलून दिलीं. ताणें मोयजेसाक एक तंबू बांदपाक सांगलें – ताचे भोंवतणी शिम आशिल्ली व्हडलो तंबू – जंय देव आपल्या लोकां वांगडा रावतलो. तांकां थंय देवाची आराधना करपाची आशिल्ली. उजवाडाचो आनी उज्याच्या खांब्यान देव तांचे वांगडा हाजीर आशिल्ल्याचें दिसतालें.



ते कनाना लागीं पावतकच, मोयजेसान बारा गुप्तचर धाडले, देवान आपल्या लोकांक दिल्लो देश पळोवंक. गुप्तचरांनी सगळ्यांनी मान्य केलें तें सोबीत! पूण फकत दोग जाण, जोशू आनी कालेब, देवाच्या आदारान आपूण देश जिखूंक शकतले अशें मानताले.



हेर धा गुप्तचर देशांतल्या बळिश्ट
शारांक आनी राक्षसांक भियेले.
“आमी जमीन घेवंक शकनात”
अशें तांणी सांगलें.



देवान तांकां
इजिप्तांतल्यान मुक्त
करपा खातीर केल्लीं
व्हडली कामां ते विसरले.

लोक धा अविश्वासी गुप्तचरांच्या फाटल्यान गेले. तांणी रडून इजिप्तांत परत वचपाची तयारी केली. तांणी मोयजेसाक मारपाचोय यतन केलो!



देवान मोयजेसाचो जीव वाटायलो. मागीर ताणें लोकांक सांगलें, “चाळीस वर्सां तुमी रानांत भोंवतले. फकत कालेब, जोशू आनी तुमचीं भुरगीं तुमी तिरस्कार केल्ल्या देशांत भितर सरपाक जियेतलीं.”



चाळीस वर्सां

देवाच्या उतरांतली, पोवित्र पुस्तोकांतली एक काणी,

आमका मेल्टा

निसर्ग १५ ते गणती १४

“तुज्या उतराचो प्रवेश उजवाड दिता”
स्तोत्र 119:130

# शेवट

हे पवित्र बायबल पुस्तक आमका आजापाचो सुंदर काणीयो सांगता देवाचे जाणे आमका रचल्यात ताका आमका जाणा जावपाक जाय.

देव जाणा आनी जायते वायट करतात ताका आमी पातक म्हणटाट. पातकाक मरण ही शिक्षा, पुण देव आमचो इतको मोग करता ताणे आपल्या एकल्या पुताक धाडलो. जेजु खुरर्सार मेलो, जेजु परत जिवंत जालो आनी सर्गार चडलो. तु तर देवाचेर विशवास दवरता ता`तुजी पातका भगझितली. तो तुमचे सागात रावतालो आनी तुमी ताच्या वागडा सदा काळ.

हे रातभर तुमी सनमानतात जाल्याक देवाक म्हणात मोगाळा जेजु हात सनमानता तु देव आनी आत तु म्हज्या पातका पासान मेलो आनी तु आता जियंत तु म्हज्या जिवितान यो आनी म्हजी पातका भोगस आनी म्हाका नवे जिवित दि हावे सदाच माग दिवपाक तुजे भुरगे कशे.

पवित्र पुस्तक वाचात आनी दर दिसा देवा कडेन उलयात! जुांव 3:16